Panaji National

9th August 2026 8.40am

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी अमेरिकेचे उपराष्ट्राध्यक्ष जे. डी. व्हान्स हांणी मुखेल वाठारांनी भारत- अमेरिका सर्वसमावेशक जागतिक धोरणात्मक भागीदारी आनीक घटमुट करपाच्या उपायांचेर चर्चा केली.

2. केंद्रीय गृह आणि सहकार मंत्री अमित शाह हाणी शारी सहकारी बँकांखातीर आनीक घटमूठ सायबर सुरक्षा आणि डिजिटल संरक्षणाची गरज अधोरेखित केली.

3. 'हर घर तिरंगा' मोहीम आयज सावन सुरू जाता आनी ती ह्या म्हयन्याच्या 17 तारखे मेरेन चलतली.

4. केंद्र सरकारान मद्रास, कलकत्ता, मध्य प्रदेश, कर्नाटक ह्या चार उच्च न्यायालयांनी 30 नव्या न्यायाधीशांची नेमणूक केल्या.

5. भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तराखंड आनी छत्तीसगडांत दाट उटनगराचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला.

6. भारतीय बॅडमिंटनपटू अश्मिता चालिहा कोरिया मास्टर्स सुपर 300 बॅडमिंटन सर्तींत आज बायलांच्या एकोडे गटाच्या फायनलींत चीनच्या क्यू हाना आड खेळतले.

PM Vance – 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांका काल अमेरिकेचे उपराष्ट्राध्यक्ष जे. डी. व्हान्स हाणी फोन केलो. सोशल मीडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदीं हाणी सांगले, तांणी भारत-अमेरिका सर्वसमावेशक जागतिक धोरणात्मक भागीदारी प्रमुख क्षेत्रांनी आनीक घटमुट करपाच्या उपायांचेर चर्चा केली. तांणी उंचेल्या पांवड्यावेल्या संवादात सातत्यपूर्ण गतीची दखल घेतली आणि व्यापार, संरक्षण, महत्त्वपूर्ण आनी उदेवपी तंत्रज्ञान, ऊर्जा सुरक्षा आणि महत्त्वपूर्ण खनिज या क्षेत्रांत सहकार्य आनीक  बळकट करपाच्या आपल्या वचनबद्धतेचो पुनरुच्चार केला. तशेंच दोनूय फुडाऱ्यांनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक घडामोडीचेरविचार-विनिमय केलो.

PM – 80

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशाचे उदरगती खातीर नवनिर्माण, संशोधन, आनी उदेपी तंत्रगिन्यानाच्या म्हत्वाचेर भर दिला.

प्रधानमंत्री मोदी हाणी भारतीय तंत्रज्ञान संस्था (आय. आय. टी.) दिल्लीच्या विद्यार्थ्यांक आपल्या निर्णयांच्या केंद्रस्थानी राश्ट्रीय हित दवरपाचें आवाहन केलें आनी आपल्या कृतींक लागून देशाक कसो फायदो जातलो आनी ताच्या गरजांची पूर्ती कशी जातली अशें स्वताक विचारपाक सांगलें. ते काल आय. आय. टी. दिल्लीच्या 57 व्या पदवीदान सुवाळ्यांत उलयताले. आत्मनिर्भरतायेचो हो उपक्रम विकसीत भारत निर्माण करपा खातीर एक घटमूठ आधार म्हूण काम करतलो अशें मोदी हाणी सांगलें.

Amit Shah Mumbai – 160

केंद्रीय गृह आणि सहकार मंत्री अमित शाह हाणी शारी सहकारी बँकांखातीर आनीक घटमूठ सायबर सुरक्षा आणि डिजिटल संरक्षणाची गरज अधोरेखित केली. ते काल मुंबयंत 'सहकार नव-क्रांती' कार्यावळीत उलयताले. डिजिटल व्यवहारांत फसवणुकीचे प्रकार वाढत आसात आणि बँकिंग सुरक्षा सुनिश्चित करपाखातीर भक्कम फॉरेन्सिक आदाराची गरज आसा अशे तांणी नमूद केले. सायबर आनी अर्थीक गुन्यांव हाताळपाक नॅशनल फॉरेन्सिक सायन्स युनिव्हर्सिटी वा (NFSU कडेन सहकार्य करपाचें म्हत्व तांणी अधोरेखित केलें. Byte

तशेंच गृहमंत्र्यांनी सिक्युरिटी ऑपरेशन्स सेंटर वा SOC सुरू केलें, जें शारी सहकारी बँकांक चोवीस वरां सायबर देखरेख आनी सुरक्षा आदार दितलें. तशेंच मुंबयच्या फोर्ट वाठारांत नॅशनल अर्बन को-ऑपरेटिव्ह फायनान्स अँड डेव्हलपमेंट कॉर्पोरेशन, (NUCFDC) च्या नव्या कार्यालय इमारतीचेंय उक्तावण तांणी केलें.

NUCFDC संस्थेचे मुख्यालय रोखडेच दिल्लीच्यान महाराष्ट्रात हालयतले; कारण भारतातल्या शारी सहकारी बँकांपैकी ७० टक्के बँको ह्योमहाराष्ट्र, गुजरात, गोय आणि कर्नाटक ह्या राज्यांनी आसात अशे तांणी सांगले.

NUCFDC आनी नॅशनल फॉरेन्सिक सायन्सेस युनिव्हर्सिटीन शाह हाच्या उपस्थितीत समजिकाय कबलातीचेर सयो केल्यो. तशेंच ताणें जायत्या संबंदीत सेवां वांगडा 'बँक इन ए बॉक्स "उपक्रम सुरू केलो.

Tiranga – 70

'हर घर तिरंगा' मोहीम आयज सावन सुरू जाता आनी ती ह्या म्हयन्याच्या 17 तारखे मेरेन चलतली. ह्या अभियानाचो उद्देश नागरिकांक आपल्या घरांचेर तिरंगो फडकावपाक आनी देशभक्ती तशेंच राश्ट्रीय एकचार वाडोवपी कार्यावळींनी वांटो घेवंक प्रोत्साहन दिवप हो आसा.२०२२ त सुरु जाल्लो हो उपक्रम आता जनसहभागाच्या एका भव्य मोहिमेत रूपांतरित जाला. अंदु या मोहिमेक खासा महत्त्व आसा, कारण ती राष्ट्रीय गीत 'वंदे मातरम'हाच्या १५० व्या वर्धापन दिसा बरोबर मनयतात. तसेच, देशभरात 'वंदे मातरम'चे सामूहिक गायनूय जातले.

UPI – 150

गिरायकां खातीर UPI फुकट उरतलो आनी सगले व्यक्ती ते व्यक्ति वेव्हार निशुल्क उरतले अशें सरकारान स्पश्ट केलां. अर्थ मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां, UPI वरवीं फारीकणी करतना गिरायकांक कसलोच वेव्हार शुल्क भरचो पडचो ना, जाल्यार चडशे वेपारी वेव्हार फुकट आसतले. जर 'मर्चंट डिस्काउंट रेट' (MDR) शुल्क लागू केले, तर ते फक्त एका विशिष्ट मर्यादेपेक्षा चड मूल्य आशिल्ल्या मर्चंट व्यवहारांचेर नाममात्र दरान आकारतले अशें मंत्रालयान स्पष्ट केले. पेमेंट आनी सेटलमेंट सिस्टिम कायद्यांत केल्ली दुरुस्ती ही UPIची दीर्घकालीन स्थीरताय, तंत्रीक प्रगती आनी उदयोन्मुख धोके आड लवचीकता सुनिश्चित करपाच्या उद्देशान एक सक्षम तरतुद आसा अशें मंत्रालयान सांगलें. वेव्हाराच्या प्रमाणांत वाड जातकीर सायबर सुरक्षा, फसवणूक आडावप, तंत्रज्ञान आनी मुळाव्या सुविधांनी सतत गुंतवणूक करप गरजेचें जातलें अशें तातूंत सांगलां.

HC Judge – 60

केंद्र सरकारान मद्रास, कलकत्ता, मध्य प्रदेश, कर्नाटक ह्या चार उच्च न्यायालयांनी 30 नव्या न्यायाधीशांची नेमणूक केल्या. सगळ्यांत चड नेमणूक म्हळ्यार -१५ न्यायाधीशांची नियुक्ती -मद्रास उच्च न्यायालयांत केल्या. तेच बरोबर, कलकत्ता उच्च न्यायालयांत 8, कर्नाटक उच्च न्यायालयांत 6, आनी मध्य प्रदेश उच्च न्यायालयांत एक एका न्यायाधीशाची नेमणूक केल्या.

कायदो आनी न्याय मंत्रालया प्रमाण ह्या 30 न्यायाधीशांमदि 20 वकील आनी 10 न्यायीक अधिकाऱ्यांचो आस्पाव आसा.

BRICS – 70

भारताच्या ब्रिक्स अध्यक्षते खाला काल भोपाळांत 11 वी ब्रिक्स संस्कृती मंत्र्यांची बसका जाली. ब्रिक्स वांगडी आनी भागीदार देशां मदले सांस्कृतिक सहकार्य घटमूट करपाच्या हेतून ह्या बसकेंत भोपाळ घोशणापत्र आपणायले. ब्रिक्साचे 10 वांगडी आनी चार भागीदार देशां सयत 14 देशांच्या प्रतिनिधीनि हे बसकेंत वांटो घेतलो. सांस्कृतीक आनी सर्जनशील उद्देगांक चालना दिवपाच्या मार्गांचेर प्रतिनिधींनी चर्चा केली. कलाकारांक चड संदी निर्माण करपाचेरूय तांणी भर दिलो. सांस्कृतिक दायजाचे जतन आणि संवर्धन हें आनीक एक मुखेल लक्ष आशिल्लें.

Amarnath – 100

जम्मू-काश्मीरांत ट्रॅकांच्या दुरुस्तीचे काम आनी वायट हवामानाची परिस्थिती लक्षात घेत, आज सावन बाल्टाल आनी पहलगाम ह्या दोनूय मार्गांवेल्यान श्री अमरनाथ जी यात्रा स्थगीत उरतली.

हालींच जाल्ल्या पावसाक लागून यात्रेच्या ट्रॅकांचेर काय असुरक्षित वाठारांची दुरुस्ती आनी देखरेख करपाची गरज आसा, आनी शिमे रस्ते संघटणेन हे दुरुस्तीचे काम हातांत घेतलां अशें काश्मीरचे विभागीय आयुक्त अंशुल गर्ग हांणी

निवेदनांत म्हणलां. भारतीय हवामान खात्यानय फुडल्या कांय दिसांनी वायट हवामानाचो अदमास उक्तायला अशें तांणी सांगलें.

57 दिसांची वर्सुकी यात्रा 3 जुलयाक अनंतनाग जिल्ह्यांतल्या पारंपारीक चंदनवारी मार्गमार्गांतल्यान आनी गंदरबाल जिल्ह्यांतल्या बाल्टाल मार्गांतल्यान एकाच वेळार सुरू जाली. आतां मेरेन 4.80 लाखां परस चड भाविकांनी ह्या पवित्र गुहा-मंदिरात दर्शन घेतले.

IMD – 60

भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तराखंड आनी छत्तीसगडांत दाट उटनगराचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला. हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, उत्तर प्रदेश, बिहार, राजस्थान, झारखंड, मध्य प्रदेश आनी ईशान्य भारताच्या कांय वाठारांनीय मुसळधार पावस पडपाची शक्यताय आसा.

जम्मू-काश्मीर, आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे, कर्नाटक, तमिळनाडू, पुदुच्चेरी, कराईकल, लक्षद्वीप आनी अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर आयज वीज आनी वादळी वार्यां वांगडा गडगड मारपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

Badminton – 40

भारतीय बॅडमिंटनपटू अश्मिता चालिहा दक्षिण कोरियांतल्या आसन हांगा चलतल्या कोरिया मास्टर्स सुपर 300 बॅडमिंटन सर्तींत आज बायलांच्या एकोडे गटाच्या फायनलींत चीनच्या क्यू हाना आड खेळतले. काल सेमीफायनलीत अश्मितान भारतीय खेळगडे रक्षिता रामराजाक 21-13, 16-21, 21-13 अशे हारयले.